# बेती हांगा पुलीस आऊटपोस्ट इमारतीचे उक्तावण
# भायल्यान येवन गोंयांत गुन्यांव  करपी घटकांपासून सतर्क रावपाचो मुख्यमंत्र्याचो उलो

ता. 9 नोव्हेंबर 2022

गोंय पुलीस नागरिकांच्या सुरक्षेखातीर बरे काम करून  आपली प्रतिमा दिसान  दीस सुदारीत आसा. तशेंच  सगळ्यां प्रकारच्या गुन्यांवांचो तपास करपा खातीर  आवश्यक  तंत्रज्ञानाचोय उपेग करपाचे शिकून घेतात. कांय गुन्यांवकारी प्रवृत्तीचे घटक भायल्यान येवन गोंयांत गुन्यांव करतात, अशा गुन्यांवकारी घटकांबाबतीत लोकांनी सतर्क रावपाची गरज आसा. राज्यांत घडपी गुन्यांवांचो सोद ९०% इतलो आसून हांतूत वाड जावपाची गरज आसाच, पुण गुन्यांव घडचेच न्हय ह्या खातीर प्रयत्न जावपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज बेती वेरे हांगा  पुलीस आऊटपोस्ट इमारतीचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

पर्यटन मंत्री श्री.  रोहन खंवटे, आमदार श्री केदार नाईक आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार   उपस्थित आशिल्लें.

बेतीच्या पुलीस आऊट पोस्टार लोकांक  आपल्यो कागाळीं दाखल करपाक मेळटल्यो.   बेतीच्या पुलीस आऊट पोस्टाक इतिहास आसा. गोंय मुक्ती चळवळीच्या काळांत आझाद गोमंतक दलाच्या स्वातंत्र्यसैनिकांनी ह्या आऊट पोस्टार  हल्लो करून पोर्तुगीज शस्त्रांची तोडफोड केल्ली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

आमदार श्री केदार नाईक हांणी आपल्या उलोवपात बेती आऊट पोस्टच्या पुलीस कर्मचाऱ्यांवतीन  वाठारांतल्या लोकांच्या सुरक्षिततेखातीर कायदो आनी सुवेवस्था राखपाखातीर करपात येवपा प्रयत्नांची तोखणाय केली.

डीजीपी श्री जसपाल सिंग, हांचेय ह्यावेळार  भाशण जाले.

जीएसआयडीसीचे उपाध्यक्ष श्री. दीपक नाईक, पुलीस महानिरीक्षक, श्री. ओमवीर सिंग, पुलीस अधीक्षक श्री शोभित सक्सेना, हेर पुलीस अधिकारी,  रेईश मागूशचे जिल्हा पंचायत सदस्य, श्री संदीप काशिनाथ बांदोडकर, सरपंच, श्रीमती. सुष्मिता सुभाष पेडणेकर, श्रीमती. श्रुती सूरज चोडणकर आनी हेर पंच वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

पीएसआय श्रीमती लॉरीन सिक्वेरा हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले जाल्यार  पुलीस अधीक्षक श्री शोभित सक्सेना, हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/689

--

Issued by

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji